regional news 16.04.2026 @ 7.25 am

रश्मी

देशाच्या सामाजीक,अर्थिक, आनी राजकीय मळार बायला महत्वाची भुमिका साकारपाक शकता. आनी ताकाच लागुन ही माची दीवपाक केंद्र सरकारान हाडील्ले नारी शक्ती वंदन अधिनियमन विधेयक महत्वाचे आसा अशे मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी म्हळा.धोरणा आखतना,तशेच नवे कायदे तयार करतना ,बांयला लोकप्रतीनीधींचो आसपाव महत्वाची आसा अशे तांणी म्हळा.

विकसित भारत करतना बायलांनी निर्णयक्षमता प्रक्रीयेन वाटो घेवपाक जाय अशे मत मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी व्यक्त केला. नारी शक्ती वंदन अधिनियमन विधेयक कायदो जाल्या उपरांत गोयच्या राजकारणान लेगीत बायला प्रतीनीधींचो सहभाग वाडटलो अशे मुखेलमंत्र्यान म्हणल.

रश्मी 120

विद्यार्थी दशेतल्या आयच्या भुरग्यांनी आनी फुडारातल्या विकसित भारतातल्या तरणाट्यांनी जिज्ञासापुर्वक लक्ष दवरून शिकचे,

दुबाव आसल्यार प्रस्न विचारचे तशेंच नावीन्याचो ध्यास घेवचो अशे मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी म्हळा.

शाळांतल्या शिक्षणाक बळकटी दिवपाच्या दिकेन एक म्हत्वाचे पावल म्हूण “तारे जमीन पर” मोबाईल STEM आनी डिजिटल प्लॅनेटेरियम उक्तावण मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी “तारे जमीन पर” अशें नाव दिल्ल्या गाडयेक बावटो दाखोवन केले. ह्या वेळार उलयतना मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी, हो उपक्रम शिक्षणाक आधुनिकतेची जोड दिवन आमच्या विद्यार्थ्यांखातीर जिज्ञासा, नवनिर्मिती आनी संशोधनाचे

नवे

मार्ग उकते करतलो. गोंयचे शिक्षण हे फकत  शिक्षणीक गरजे पुरते मर्यादित उर नास्ताना विद्यार्थ्यांक आत्मविश्वासू, कुशळ आनी फुडारा खातीर तयार करपी आसपाक जाय, अशें तांणी नमूद केले

रश्मी

पणजी मळा हांगाच्या तळयातले नुस्ते मरपाचे कारण म्हणल्यार तळ्यात सोडील्ले घाणयारे सिवरेजीचे उदक,कोयर,तशेंच tidal flow ना जावप,प्राणवायुचो उणाव ही कारणा जबाबदार आसात अशी म्हायती पणजी म्हापालीकेचे महापौर रोहीत मोन्सेरात हांणी दील्या. हो प्रस्न सुटावो करपाक तशेच सांत इनेज क्रीक,ताळगांवची उदकास्रोता आनी  अशी उदकाच्या स्तोत्रातले प्रदुशण उणे करपाच्या नदरेतल्यान 6 म्हयन्याभितर सल्लागार नेमतले अशी म्हायती ताणी दीली .मळा तळे दुशित करप्यांचेर कारवाय जातली अशी शिटकावणी तांणी दील्या.

गणेश

जनगणनेच्या पयल्या पांवड्या खातीर घराक भेटी दिवन घरां विशयी म्हायती एकठांय क रपाचो वावर आयज सावन सुरू जातलो. 16 एप्रील ते 15 मे मेरेन घरांची गणना जातली. देशाच्या हेर राज्यां सयत गोंयांतूय आतां जनगणना 2027ची प्रक्रिया सुरू जातली. 1 ते 1 5 एप्रील मेरेन स्व

गणना जाले उपरांत 16 एप्रील सावन घरांची गणना जातली. 15 मे मेरेन हो पांवडो पुराय जावपाची गरज आसा. ह्या पांवड्या खातीर गणना करपी कर्मचाऱ्यासयत अधिकाऱ्यांची नेमणूक जाल्या, अशी म्हायती नियोजन आनी सांख्यिकी खात्याचे संचालक विजय सक्से ना हांणी दिली. गोंयांत 12 हजार लोकांनी स्व

गणना केल्या .घरांच्या जनगणनेच्या पयल्या पांवड्यार 33 प्रकारचे प्रस्न विचारतले. घरा चो नंबर, वणत/पाख्यां खातीर वापरिल्लें साहित्य, घराचो वापर, घराची स्थिती, घराच्यो

कुडी, घरांत रावपी मनशां, घराचो मुखेली, पियेवपाच्या उदकाचो स्रोत, शौचालय, रांदचीकूड, एलपीजी जोडणी वा रांदपा खातीरच्या इंधनाची विचारणा जातली

dip

नामनेचे शास्त्रज्ञ आनी पद्मभूषण पुरस्कार जैतिवंत डॉ. रघुनाथ माशेलकर हांकां तांच्या विज्ञान, संशोधन आनी राष्ट्र उबारणीच्या मळावयल्या उत्कृश्ट योगदाना खातीर फाल्या 'गोमंत गौरव

सन्मान' भेटयतले. कला अकादमीत आयोजीतसांजेच्या 4.00 वराचेरगौरव सन्मान' भेटयतले.

स्पोर्ट्स

आयपीएल क्रिकेटांत काल रातीं रॉयल चॅलेंजर्स बेंगळुरून लखनौ सुपर जायंटस हांकां पांच विकेटींनी हारयले. आयज सांजवेळा 7:30 वरांचेर मुंबय इंडियन्स आनी पंजाब किंग्स खेळटले.

वेदर

पणजी वेधशाळेन नोंद केल्ले प्रमाण गोयात कमाल तापमान ३४. डिग्री celcius आसतले जलयार किमान तापमान 26.5 celcius आसतले